गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी-गोंय
पत्रक

## हॉटेल/घरमालकांनी भाडेकारांची म्हायती घेवची

ता. 7 ऑगस्ट 2019
16 श्रावण 1941

उत्तर गोंय जिल्होधिका-यान एका आदेशावरवीं उत्तर गोंय वाठारांतल्या सगळयां हॉटेलांचे मालक/वेवस्थापनां, लॉजिंग-बोर्डिंग, खाजगी गेस्ट हाऊसीस, पेईंग गेस्ट हाऊसीस, तात्पुरत्या निवासाची वेवस्था करपी घरांचे मालक, इमारती आनी फ्लॅट मालक आनी धार्मिक संस्थांनी वेंचणूक कार्ड, वाहन चलोवपाचो परवानो, स्मार्ट कार्ड, रोजगार कार्ड, आधार कार्ड वा सरकारान जारी केल्ल्या हेर खंयच्या फोटो वळखपत्रा बगर खंयच्याय पर्यटक वा गिरायकांक रावपाक रूम्स दिवचे न्हय. गिरायकाची नोंद करपाखातीर वयल्या खंयच्याय वळखपत्राची स्वतः प्रमाणित केल्ली प्रत घेवची.

तशेंच भाडेकारांन आपली सगळी माहिती लागीच्या पुलीस स्टेशनार दिवप गरजेची आसा. अशी माहिती न दिवपी भाडेकारांक घरमालकांनी आपले घर भाडयाक दिवचे न्हय. मालकांनी आपली गिरायकां वा भाडेकारांची माहिती सांबाळून दवरची आनी जेन्ना पुलीस यंत्रणेक वा खंयच्याय हेर अधिकारीणीक अशा माहितीची गरज लागता तेन्ना ती उपलब्ध करची.

हो आदेश 60 दिसाच्या काळाखातीर म्हळ्यार 7 ऑक्टोबर 2019 मेरेन लागू आसतलो.
मा/वाप/एमएस/जॉआ/विगां/प्रधु/2019/469

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA